Panaji Regional 27th March 2026 7.20pm

सरकारान पेट्रोल आणि डिझेलावेल्या केंद्रीय उत्पादन शुल्कात प्रति लिटर १० रुपयांची कपात केल्या. मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत

भारतीय न्याय संहिता ,भारतीय नागरिक सुरक्षा संहिता आनी भारतीय साक्ष्य अधिनियम हे तीन नवे कायदे भारत सरकारान चालीक लायल्या उपरांत, बरेचश्या कायदीशीर प्रकरणांचे निकाल दिवपाचे काम फास्ट्रेक जाला अशे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी म्हणला.

पणजी म्हापालीकेचे मेयर पदाखातीर रोहीत मोन्सेरात आनी उपनगराध्यक्ष पदां खातीर वसंत अग्शिकार हांणी उमेदवारी दाखल केल्या.

भारतीय क्रिकेट नियामक मंडळ (BCCI)न इंडियन प्रीमियर लीग (IPL) २०२६ च्या दुसऱ्या टप्प्याचे वेळापत्रक जाहीर केला.

केंद्र सरकारान घरगुती वापरा खातीरच्या पेट्रोल आनी डिझेलावेल्या केंद्रीय उत्पादन शुल्कात प्रति लिटर १० रुपयां कपात केल्या. अस्तंत आशियांतल्या संकटाच्या फाटभूंयचेर हो निर्णय घेतला अशे अर्थमंत्री निर्मला सीतारामन हांणी सोशल मीडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत सांगले. हाका लागून गिरायकांक वाडट्या दरांपासून थाकाय मेळटली अशें तांणी सांगलें.

डिझेलाच्या निर्यातीचेर प्रति लिटर २१.५० रुपया आनी विमान इंधनाचेर प्रति लिटर २९.५ रुपया कर लागू केला, जाका लागून घरगुती वापरा खातीर या उत्पादनांची पुरेशी उपलब्धता सुनिश्चित जातली अशें तांणी सांगले.

Rashmi – 90

पेट्रोलाचेर अबकारी कर 13 रुपया वयल्यान 3 रुपया मेरेन आनी डिझेल शुल्क 10 रुपया वयल्यान शून्य करपाक केंद्रीय सरकारान घेतिल्ल्या निर्णयाक हांव पुराय मनान येवकार दितां अशे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी म्हणला.

"अस्तंत आशियांतल्या संघर्शाक लागून संवसारीक पांवड्यार कच्च्या तेलाचे दर वाडिल्ल्याच्या परिणामा पासून नागरिकांची राखण करपाची आनी सामान्य मनशाक थाकाय दिवपाच्या सरकाराच्या वचनबद्धतेचें हें स्पश्ट प्रतिबिंब आसा अशे मुखेलमंत्र्यान म्हळा.

वेळार केल्ल्या ह्या हस्तक्षेपाक लागून इंधन स्थिरताय सुनिश्चीत जातली, तेल विपणन कंपनींक आदार मेळटलो आनी देशांतल्या लोकांक थाकाय मेळटली अशें मत मुखेलमंत्री प्रमोद सावंत हांणी व्यक्त केला.

Nirmala fuel – 30

पेट्रोल, डिझेल आनी विमान इंधन (ATF) हांच्या दरांत वाड जावची ना, हाची खात्री सरकारान केल्या अशे अर्थमंत्री निर्मला सीतारामन हांणी सांगलें. नवी दिल्लींत पत्रकारां कडेन उलयतना तांणी हि म्हायती दिली. Byte

LPG allocation – 60

सरकारान राज्यां खातीर वेपारी एलपीजी चे वाटप वाडोवन ७० टक्क्यां मेरेन करपाचो निर्णय घेतला. हातूंतलें २० टक्के वाटप Steel, ऑटोमोबायल, वस्त्रोद्योगआनी हेर श्रम-प्रधान उद्योगांक दितले.

सोशल मीडिया पोस्टांत हाची घोषणा करतना पेट्रोलियम आनी सैमीक वायू मंत्री हरदीप सिंह पुरी हांणी सांगलें, वेपारी एलपीजीची पुरवण सुरळीत करप हो हाचो उद्देश आसा. ज्या उद्योगां कडेन पाईपलायन गॅसाचो पर्याय ना, तांकां प्राधान्य दितले, अशेंय तांणी म्हळें.

CM (Rashmi) – 135

भारतीय न्याय संहिता ,भारतीय नागरिक सुरक्षा संहिता आनी भारतीय साक्ष्य अधिनियम हे तीन नवे कायदे भारत सरकारान चालीक लायल्या उपरांत, बरेचश्या कायदीशीर प्रकरणांचे निकाल दिवपाचे काम फास्ट्रेक जाला अशे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी म्हणला. कला अकादमीत आयोजित ह्या प्रदर्शनाक आयज मुखेलमंत्री प्रमोद सावंत हांणी भेट दिवन पळोवणी केली.

भारीतय न्याय संहिता कायदो येस्सवीरित्या चालीक लावपी गोंय हे पयले राज्य म्हण गोंय पुलिशेक मुखेलमंत्र्यान शाबासकी दिली. हे तीन नवे कायदे कशा पध्दतीन कार्यरत जातले हाची नागरीकांक म्हायती दिवपी हे प्रदर्शन आसा. हे प्रदर्शन सर्वसामान्याखातीर उक्ते आसा. कायद्याचे म्हयती ह्या प्रदर्शनावरवी जातली. तशेचं गृह खात्याच्य कामाची म्हायती मेळटली. वेर्णा हांगसल्ले फोरेन्सिक लबाचे उक्तावण रोखडेच जावपाचे आसा अशेय ह्यावेळार मुखेलमंत्र्यान म्हळा. हे शिवाय गृह खात्यावरवी राज्यातल्या पुलिस स्थानकांचे डीजीटलायजेशन करप तशेंच अत्याधुनिक यंत्रणा, आवश्यक कर्मचारी मनीसबळ दिवपाक, गोंय सराकरान पयले प्राधान्य दिला अशी म्हायती मुखेलमंत्र्यान दिल्या.

Rashmi – 70

पणजी म्हापालीकेचे मेयर पदाखातीर रोहीत मोन्सेरात आनी उपनगराध्यक्ष पदां खातीर वसंत अग्शिकार हांणी उमेदवारी दाखल केल्या. नवो नगराध्यक्ष आनी उपनगराध्यक्ष वेंचपाची वेंचणूक 30 मार्चाक सकाळीं 11 वरांचेर जातली.

फुडारात जावपी विधानसभा वेंचणुके लढोवपाची इत्सा आशिल्ल्यान पणजी म्हापालिकेचेर मेयर म्हण निवड जाली जाल्यार आपलो मेयर पदाचो कार्यकाळ थोड्याच काळा खातीर आसतलो अशें रोहित मोन्सराते हांणी सांगलें.

मेयर म्हण आपल्या थोड्याच काळांत पणजीच्या उदरगतीचेर आनी वेंचणुकेच्या प्रचारांत दिल्ले सगळे आश्वासन पुराय करपाचेर आपलें लक्ष आसतलें अशें तांणी म्हळा.

NIOS – 70

नॅशनल इन्स्टिट्यूट ऑफ ओपन स्कूलिंग (एनआयओएस) दर वर्सा एप्रिल-मे आनी ऑक्टोबर-नोव्हेंबरांत- अश्यो दोन फावटीं एनआयओएस मुख्यालयान थारायिल्ल्या तारखेक सार्वजनिक परिक्षा घेता.

महाराष्ट्र आनी गोंय राज्यांनि विहित परिक्षा केंद्रांचेर 10 एप्रिल 2026 सावन, माध्यमीक आनी उच्च माध्यमीक अभ्यासक्रमां खातीर एनआयओएस सार्वजनिक परिक्षा (थिअरी) सुरू जावपाची आसा. ह्या परिक्षांचें वेळापत्रक एनआयओएस संकेतथळार उपलब्ध आसा.

ह्या थिअरी परीक्षांखातीर हॉल तिकेटी रोखडीच जारी जातली आणि एनआयओएसच्या या संकेतथळा वयल्यान डावनलोड करूं येता.

Sushant – 85

पैगीण काणकोण हांगाच्या श्री संस्थान गोकर्ण पर्तगाळ मठात आज श्रीराम जल्म सुवाळो मोठे उमेदीन आणि भक्तीभावान मनयलो.

मठाचे अधिपती श्री विद्याधीश तीर्थ स्वामींनी आयज दनपारां 1:45 वरांचेर बाल रामाक पाळण्यात घालून श्रीराम जल्म मनयलो. ह्या शुभ प्रसंगाचेर स्वामीजीनी मंत्र घोष करून बाळक रामाक पाळण्यांत दवरलो. ते आदी स्वामीजीचे सुरवेक प्रवचन जालें. ह्या रामचंद्र जल्म सुवाळ्याक कर्नाटक, महाराष्ट्र आनी गोंयच्या हजारांनी भक्तांनी वांटो घेतिल्लो.

आज राती ह्या मठ वाठारांत श्रीराम रथारोहण सुवाळो जातलो. फाल्या श्रीराम पट्टाभिषेक सुवाळो जावन पाच दिस चलपी श्री राम नमीचो सुवाळो सोपतलो.

DIP – 100

गोंय सरकाराच्या कला आनी संस्कृती संचालनालयान “गोंयांतल्या वारकऱ्यां खातीर मजत येवजण” हे येवजणे खाला गोंयच्या वारकरी पंगडांची नोंदणी करपाची प्रक्रिया सुरू केल्या. गोंयच्या वारकरी संप्रदायाक वर्सुकीं पंढरपूर वारींत सहभागी जावपाक आनी भक्ती परंपरा सांबाळून दवरपाक मजत करपा खातीर ही येवजण सुरू केल्या. पंढरपूर वारीच्या काळांत गोंयच्या वारकरी संप्रदायाची योग्य वेवस्था जावची म्हूण ही येवजण आसा.

गोंयच्या सगळ्यां दिंडी पंगडांच्या प्रमुखांनी विहित नमुन्यातलो अर्ज भरून आवश्यक दाखल्या सयत वेळार सादर करचो. तशेंच दिंडीत सहभागी जावपी वारकऱ्यांची म्हायती आनी तपशील तपासपाक जाय, जेणे करून नोंदणी प्रक्रिया वेवस्थित जातली.

नोंदणी अर्ज संचालनालयाच्या www.artandculture.goa.gov.in. ह्या वेबसायटीचेर उपलब्ध आसा. अर्ज सादर करपाची निमाणी तारीख 10 मे 2026 आसा.

IPL – 60

भारतीय क्रिकेट नियामक मंडळ (BCCI)न इंडियन प्रीमियर लीग (IPL) २०२६ च्या दुसऱ्या टप्प्याचे वेळापत्रक जाहीर केला. 'प्ले-ऑफ्स'च्या सुवातीं विशीची सविस्तर माहिती उपरांत दितले. दुस्या टप्प्याची सुरवात सनरायझर्स हैदराबाद आनी राजस्थान रॉयल्स ह्या पंगडां मदले मॅची वरवीं जातली.

IPLच्या पयल्या टप्प्याची सुरवात फाल्यां जातली आनी बेंगळुरूच्या एम चिन्नास्वामी स्टेडियमांत डिफेंडिंग चॅम्पियन रॉयल चॅलेंजर्स बेंगळुरू आनी सनरायजर्स हैदराबाद हांचे मदीं खेळ जातलो.

Weather –

Panaji Maximum – 34.6 degrees celcius

Minimum – 26.8 degrees celcius